**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक ओणम सणाची परबीं**

ता. 07 सप्टेंबर 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून केरळातल्या बांधवांक ओणम सणाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ओणम सणाच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक आनी खास करून केरळातल्या बांधवांक मनाकाळजा सावन उर्बेभरीत परबीं भेटयता.

ओणम हो केरळातलो व्हडलो लुवणीचो उत्सव आनी तो जात, धर्म आनी समाज भेदभाव करीनासतना देशांत सगळें कडेन राष्ट्रीय उत्सव म्हूण मनयतात. केरळची संस्कृती आनी परंपरेचो हो उत्सव आनी तो व्हडा उमेदीन आनी दबाजान मनयतात. 10 दिसांचो हो रंगयाळो उत्सव राजा महाबली आपल्या घरा परत आयिल्ल्या उमेदीच्या प्रसंगाच्या उगडासाक मनयतात आनी तो रंगीत पुकलम, स्वादिश्ट ओनसादा, स्नेक बोट रेस आनी कायकोट्टीकली नाचाखातीर फामाद आसा.

ओणम सारख्या उत्सवातल्यान आमच्या देशाचो सांस्कृतीक वारसो समृध्द जावपा वांगडाच लोकांमदी बरेपण, इश्टागत वाडटा आनी आमच्या देशाच्या विविधतायेत एकवट आनी आपलेपणाचे नाते मजबूत जाता.

ओणम सणाचो हो शुभ प्रसंग गोंयच्या लोकांच्या जीणेत खुशालकाय, शांतीकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/505

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji